# <u>संवसारीक मलेरिया दीस मनयलो</u>

ता. 25 एप्रिल 2022

भलायकी सेवा संचालनालयान राष्ट्रीय वेक्टर जनित रोग नियंत्रण कार्यक्रमाखाला आयज पणजे मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरांत राज्य पांवड्याचेर आयोजीत कार्यक्रमात संवसारीक मलेरिया दिस मनयलो.

कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हूण इंडियन मेडिकल असोसिएशनचे अध्यक्ष डॉ. रूफिन मौंतेरो हे उपस्थित आशिल्ले. मलेरिया रोगाचेर नियंत्रण हांडपाक नव्या उपायांचो सोद ह्या विशयांचेर उलयताना डॉ. मोन्तेरो हांणी पयलीच्या काळार मलेरिया रोगाचेर नियंत्रण हांडप हे एक व्हड आव्हान आशिल्ल्याचे सांगून भलायकी कर्मचाऱ्यांच्या सेवेची तोखणाय केली. मलेरिया रोगाच्या निर्मूलनाखातीर आतामेरेन केल्ल्या कामाचेर आमी समाधानी न रावता सगळ्यांनी सतत सतर्क रावपाची गरज उक्तायली.

कार्यक्रम अधिकारी डॉ. कल्पना महात्मे हांणी गोंय राज्यांत मलेरिया नियंत्रणाखातीर केल्ल्या उपायांचो नियाळ घेतलो.

ह्या वेळार उपस्थितांमदी भलायकी सेवा संचालनालयाच्यो संचालक डॉ. गीता काकोडकर, उपसंचालक डॉ वंदना धुमे, डॉ रूपा नाईक आनी हेरांचो आस्पाव आशिल्लो.

ह्या वेळार मानेस्तांच्या हस्तुकीं मलेरिया निर्मूलनावयल्या पोस्टर सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटयली. तशेंच उत्कृश्ट सेवेखातीर भलायकी सेवा मळावयल्या कर्मचाऱ्यांचो सत्कार केलो.

डॉ. नंदीनी कोरगांवकर हांणी निमाणे उपकाराचे उलवप केले. उमेश खोलकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/295

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji